## गोंय मनीसबळ उदरगत महामंडळावतीन स्वच्छ अभियान

ता. 3 ऑक्टोबर 2018
11 आश्विन 1940

गोंय मनीसबळ उदरगत महामंडळान काल 2 ऑक्टोबराक गोंयच्या वट्ट 38 वाठारांत महामंडळाचे सुरक्षा आनी हाऊसकिपिंग कर्मचा-यांच्या सहभागान स्वच्छ भारत अभियान आयोजित केल्ले. हया नितळसाण अभियानात महामंडळाचे सुमार 1205 कर्मचारी सहभागी जाल्ले.

वेवस्थापकीय संचालक श्री. मधुकर फळ आनी सरवेवस्थापन (सुरक्षा) लेफ्ट. कर्नल ऑस्टिन कुलासो हांणीय स्वच्छ भारत अभियानात वाटो घेतलो.

कर्मचा-यांनी सुको कोयर, प्लास्टिक बाटल्यो, पिशव्यो आनी हेर कोयर एकटाय करून कोयरा पेटयानी भरलो. सुमार वीस हजार किलो सुको कोयर एकटाय करून कर्मचा-यांनी त्या कोयराची विल्हेवाट लायली. महामंडळाच्या कर्मचा-यामदी नितळसाणेविशी जागृती करप हो अभियानाचो मुखेल उद्देश आशिल्लो.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1617